29th July 2026

8.40am

## मुखेल खबरो

1. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, सरकारी सचीवांकडेन जाल्ले, दुसरे उंचेल्या पांवड्यावेल्या बसकेंत, वेगवेगळी मंत्रालयां आनी खात्याच्या कामाचो नियाळ घेतलो. विकसित भारताच्या ध्येयां कडेन प्रगती नेटान करपाचेर, बसकेंत भर दिल्लो.
2. भौशीक परिक्षा (अनुचित साधनां आडावप) दुरुस्ती विधेयक, 2026 विशींच्या चर्चेन, लोकसभेचे कामकाज आयज परतून सुरू जातले.
3. पाकिस्तान व्याप्त जम्मू-काश्मीरांत जाल्ल्या क्रूर कारवायेंत, फाटल्या दोन दिसांत, मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो 30 चेर पावल्या.
4. रेल्वेन गणेश भक्तां खातीर, 11 ते 27 सप्टेंबर मेरेन 246 खासा गाडयो सुरु करतले, अशी म्हायती दिल्या. बुकींग 1 ऑगस्ट सावन सुरू जातलें.
5. ग्लासगोंत चालू आशिल्ल्या राष्ट्रकुल खेळां सर्तींत, गुलवीर सिंगान दादल्यांच्या 10 हजार मीटर धावपाच्या सर्तींत, रुप्या पदक मेळयला. पदक जिखपी पयलो भारतीय खेळगडो थारला.

## पीएम मीट

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल, आपल्या निवासस्थानार सरकारी सचीवांकडेन जाल्ले, दुसरे उंचेल्या पांवड्यावेल्या बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळ्ळे. हे बसकेंत प्रधानमंत्र्यानी अर्थ आनी अर्थवेवस्था, वाणिज्य आनी उद्देग, तंत्रज्ञान क्षेत्रां कडेन संबंदीत आशिल्ली मंत्रालयां आनी खात्याच्या फुडल्या कृतीचो नियाळ घेतलो. विकसित भारताच्या ध्येयां कडेन प्रगती नेटान करपाचेर, बसकेंत भर दिल्लो. हे बसके वेळार प्रधानमंत्री मोदी हांणी मंत्रालयां आनी खात्यांतल्यान, पंगड तयार करपाचेर खर लक्ष केंद्रीत करून, अधिकाऱ्यांनी वांटून घेतिल्ल्या उद्देशाची, जाणविकाय दवरून काम करचे, असो उलो मारलो. दर एक निर्णय आनी धोरण सामान्य नागरिकाच्या हित आनी आकांक्षांचेर आदारून आसपाक जाय, अशी इत्सा प्रधानमंत्री मोदी हाणी उक्तायली.

लोकसभा विधेयक

भौशीक परिक्षा (अनुचित साधनां आडावप) दुरुस्ती विधेयक, 2026 विशींच्या चर्चेन, लोकसभेचे कामकाज आयज परतून सुरू जातले. केंद्रीय मंत्री डॉ जितेंद्र सिंग हाणी काल सभाघरांत, विधेयक विचारा खातीर आनी संमत करपा खातीर मांडलें. ह्या विधेयकांत भौशीक परिक्षा (अयोग्य साधनां आडावप) कायदो, 2024सात दुरुस्ती करपाचो यत्न केला. परिक्षांनी जावपी गैरवेव्हारांचेर, खर कारवाय करपाची तरतूद ह्या विधेयकांत आसा. तातूंत 10 वर्सां मेरेन बंदखण, 10 कोटी रुपया मेरेन दंड आनी गुन्यांवकाराची मालमत्ता जप्त करप, अशे उपाय आस्पावतात. तशेंच फास्ट ट्रॅक कोर्ट स्थापन करप, दोन म्हयन्यां भितर चवकशी पुराय करप आनी तीन म्हयन्यां भितर खटलो चलोवप, हें सक्तीचें आसा. ह्या विधेयकाक लागून विद्यार्थ्यांच्या हिताची राखण जातली आनी भौशीक परिक्षांची विश्वसनीयताय घटमूट जातली, अशें केंद्रीय राज्यमंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह हाणी सांगलां. तेच बरोबर देशांतल्या तरणाट्यांच्या फुडारा कडेन कोणाकूच तडजोड करपाक दिवचे न्हय, असो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीचो संकल्पय, तांणी परतून सांगलो. मंत्री सिंह काँग्रेसीचेर टीका करताना म्हटलें, कि काँग्रेस आनी युपीएच्या काळांत जाल्ल्या पेपर लीक प्रकरणांक, तोंड दिवपा खातीर व्यापक असो कायदो नाशिल्लो. तांणी मुखार म्हळें, कि

Pakistan

पाकिस्तान व्याप्त जम्मू-काश्मीरांत जाल्ल्या क्रूर कारवायेंत, फाटल्या दोन दिसांत, मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो 30 जाला आनी आनीक जायते जाण, जखमी जाल्यात. थळाव्या गटाच्या संयुक्त आवामी ऍक्शन समितीच्या म्हणण्या प्रमाण, पाकिस्तानी लश्करान हजारांनी निदर्शकांचेर फारपेट केलो आनी सोमारा 25 जाणांक आनी मंगळारा पांच जाणांक मरण आयलें.

गणपती खाशेली गाडयो

केंद्रीय रेल्वेन गणेश भक्तां खातीर, 11 ते 27 सप्टेंबर मेरेन 246 खाशेल्यो गाडयो चलयतले. तातूंत मुंबय आनी पुणे हांकां सावंतवाडी, रत्नागिरी आनी मडगांव हांचे कडेन जोडपी 184 राखीव सेवा तशेच दिवा आनी खेड हांचे मदीं 62 राखीव सेवांचो

आस्पाव जाता. राखीव गाडयां खातीर बुकींग 1 ऑगस्ट सावन सगळ्या काउंटरांचेर आनी आय.आर.सी.टी.सी संकेतथळार सुरू जातलें.

West Bengal नीट

नीट आंदोलनात वांटो घेवपी विद्यार्थ्यांचेर खर वा दंडात्मक कारवाय करचे ना, अशें अस्तंत बंगाल सरकारान थारायलां. मात, गुन्यांवकारी फाटभूय वा नोंदी आशिल्ल्यां आड कारवाय जातली, अशें राज्य सरकारान सांगलां. राज्यांतल्या नीट निशेधा संबंदी आतां मेरेन, 16 जाणांक अटक केल्या, अशें तांणी पत्रकार परिशदेंत सांगलां.

EXPORTS

भारताची वट्ट निर्यात 2025-26 वितीय वर्सा विक्रमी 863 पूज्य 1 अब्ज अमेरिकन डॉलर मेरेन पावली. वेपारी आनी सेवा निर्यात, ह्या दोनूय मळार बरी वाड जाल्या आनी देशांतल्या मुक्त वेपार करारा खाला, बाजारांत प्रवेश वाडोवपाक आदार मेळ्ळा, अशें सरकारान काल संसदेक सांगलें. वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण, वेपारी वस्तूंची निर्यात 441 पूज्य 8 अब्ज डॉलर जाल्यार, सेवा निर्यात 421 पूज्य 3 अब्ज डॉलर मेरेन पावल्या.

दिल्ली लक्ष्मी येवजण

दिल्ली सरकारान, दिल्ली लक्ष्मी येवजणेक मान्यताय दिल्या, जी बायलांचें अर्थीक सशक्तीकरण आनी समाजीक सुरक्षा, हांचे कडेन म्हत्वाचें पावल थारलां. हे येवजणे खाला पात्र बायलांक, दर म्हयन्याक दोन हजार पांचशें रुपयांची अर्थीक मजत मेळटली. दिल्लीची मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता हांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्ले मंत्रीमंडळ बसकेंत, येवजणेच्या मार्गदर्शक तत्वांक मान्यताय मेळ्ळी. 2026-27 वर्साच्या अर्थसंकल्पांत हे येवजणे खातीर, ५ हजार ११० कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

TIGER

वाग संवर्धना विशीं जागृताय करपा खातीर, सैमीक सुवातींची राखण करपा खातीर आनी रानवटी वागांच्या उणी जायत वचपी संख्येचेर, उपाय काडपा खातीर आयज संवसारभर आंतरराष्ट्रीय वाग दीस मनयतात. नोव्हेंबर २०१०त रशियेंत जाल्ल्या सेंट पीटर्सबर्ग वाग शिखर सभेंत, ताची स्थापणूक जाली. भारता सयत 13 वागांच्या वाठारांतल्या फुडाऱ्यांनी, 2022 मेरेन संवसारीक वागांची संख्या दुपेटीन वाडोवपाचें महत्वाकांक्षी ध्येय आपणायलें. 2010 वर्सा, संवसारीक पांवड्यार फकत सुमार 3 हजार 200 रानटी वाग उरल्यात, असो अदमास आशिल्लो.

## राष्ट्रकुल खेळ

ग्लासगोंत चालू आशिल्ल्या राष्ट्रकुल खेळां सर्तींत, गुलवीर सिंगान दादल्यांच्या 10 हजार मीटर धावपाच्या सर्तींत, रुप्या पदक मेळयला. पदक जिखपी पयलो भारतीय खेळगडो जावन, ताणें इतिहासास रचलो. मजगती, बायलांच्या 69 किलो वजन उखलपाच्या सर्तींत हर-जिंदर कौरान, रुप्या पदक जोडलें. हाचे वांगडाच ग्लासगो खेळां सर्तींत भारताच्या पदकांची संख्या 2 भांगरा, 7 रुप्या आनी 3 कांस्य पदक सयत, 12 मेरेन पावल्या. हर-जिंदर कौर हाणी आपल्या जैताचेर खोस उक्तायली.

## आसाम हुंवार

आसामांत हुंवारांतल्यान मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो 75 जाला आनी काल फकत शिवसागर जिल्हयांतल्यान, आनीक सात जाणांक मरण आयलां. आसामांतल्या बाधित जिल्हयांनी हुंवाराची परिस्थिती ल्हवू ल्हवू सामान्य जावपाक लागल्या. हुंवारानग्रस्त वाठारांनी वीज सयत, गरजेच्यो सेवा परतून सुरू केल्यात. सरकारान 1 ऑगस्टा सावन हुंवारानग्रस्त वाठारांनी विद्यार्थ्यां खातीर शिक्षणीक मजत दिवपाची घोशणा केल्या. घरां, पशुधन, नुस्तेमारी आनी पिकांक जाल्ल्या नुकसानाचें मुल्यांकन 3 ऑगस्टा सावन सुरू जातलें, उपरांत पात्र लावार्थ्यांक लुकसाण भरपाय दितले. मजगती, पावसाक लागून ओडिशात हुंवार आयिल्ल्यान, राज्यांतल्या जायत्या वाठारांनी सामान्य जिणेंत व्यत्यय आयला. हुंवाराक लागून रस्त्यांचो संपर्क खंडीत. हुंवाराची परिस्थिती इबाडत आशिल्ल्यान, आयज आठ जिल्हयांनी शाळा बंद आसात. राज्यांतल्या कांय वाठारांनी

व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आशिल्ल्यान रहिवाशांनी सादूर रावपाक आनी अधिकृत सल्ल्यांक खरपणान पाळो दिवचो, असो उलो प्रशासनान मारला.

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन छत्तीसगड, उदेंत मध्य प्रदेश आनी विदर्भात उटनगराचो पावस पडपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्यानं red अलर्ट जारी केला. जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, उत्तर प्रदेश, झारखंड, मध्य महाराष्ट्र आनी मराठवाडा हांगा आयज व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास आसा. मजगती गोयांत 31 जुलय मेरेन पावसाचो येलो एलर्ट जारी केला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

1. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, सरकारी सचीवांकडेन जाल्ले, दुसरे उंचेल्या पांवड्यावेल्या बसकेंत, वेगवेगळी मंत्रालयां आनी खात्याच्या कामाचो नियाळ घेतलो. विकसित भारताच्या ध्येयां कडेन प्रगती नेटान करपाचेर, बसकेंत भर दिल्लो.
2. भौशीक परिक्षा (अनुचित साधनां आडावप) दुरुस्ती विधेयक, 2026 विशींच्या चर्चेन, लोकसभेचे कामकाज आयज परतून सुरू जातले.
3. पाकिस्तान व्याप्त जम्मू-काश्मीरांत जाल्ल्या क्रूर कारवायेंत, फाटल्या दोन दिसांत, मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो 30 चेर पावल्या.
4. रेल्वेन गणेश भक्तां खातीर, 11 ते 27 सप्टेंबर मेरेन 246 खासा गाडयो सुरु करतले, अशी म्हायती दिल्या. बुकींग 1 ऑगस्ट सावन सुरू जातलें.
5. ग्लासगोंत चालू आशिल्ल्या राष्ट्रकुल खेळां सर्तींत, गुलवीर सिंगान दादल्यांच्या 10 हजार मीटर धावपाच्या सर्तींत, रुप्या पदक मेळयला. पदक जिखपी पयलो भारतीय खेळगडो थारला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले, आयज सांजे ६ वरा जावन ३० मिनटांचेर.